
विस्तार पत्रिका क्र. २५

२०००

# - कृषि विज्ञान केन्द्राचे कार्यक्रम -




भाकृअनुप
ICAR

## कृषि विज्ञान केन्द्र

भारतीय कृषि संशोधन परिषद्, संशोधन संकुल

एला, ओल्ड-गोवा, गोवा - ४०३ ४०२.

# कृषि विज्ञान केन्द्राचे कार्यक्रम

गोंय हे शेतीप्रधान राज्य, गोंयची उर्दगत जातली जाल्यार शेतीची उर्दगत जावपाक जाय. शेतीची उर्दगत जातली जाल्यार, शेतकऱ्यानी शेतीचे सुधारित तंत्र वापरुन शेती करपाची गरज आसा. सध्या बरेचशे शेती तंत्रज्ञान उपलब्ध असा, जे शेतकऱ्यामेरेन पावपाची गरज असा. हे शेती तंत्रज्ञान शेतकऱ्यांमेरेन पावोवपाखातीर १९८३ सालांत भारतीय शेती संशोधन परिषदेच्या संशोधन संकुलात, कृषि विज्ञान केन्द्राची स्थापना केली. कृषि विज्ञान केन्द्राची कांय ठळक उदिष्टा आसात ती अशी.

१. शेती आणि सलग्न विषयाचेर प्रशिक्षण आयोजीत करप.
२. शेतकऱ्याच्या शेताचेर प्रयोग करप.
३. शेतकऱ्याच्या शेताचेर प्रात्यक्षीका घेवप.
४. विस्तार कर्मचाऱ्याक प्रशिक्षण दिवप.

कृषि विज्ञान केन्द्राचेर एकुण स विभागानी प्रशिक्षण दितात. या वेगवेगळ्या विभागानी दिवपात येतात ते प्रशिक्षण कायक्रम अशे आसात.

## १. शेती विभाग

अ) बासुमती आणि संकरित भात लागवडीचे तंत्रज्ञान
ब) भीकणां आणि कड्डणा लागवडीच्यो सुधारित पध्दती
क) कंपोस्ट खत करपाच्यो पध्दती
ड) भात आणि भीकणांखातीर सुधारित आयीत्या
इ) साऱ्याचो योग्य वापर
ई) भीकणां आणि कड्डणाची बीयाखातीर साठवण
उ) गायणोळ खत तंत्रज्ञान

## २. बागायती विभाग

अ) माड आणि माडामधल्या मिश्रपिकांची लागवड
ब) परसबाग
क) अळम्याची लागवड
ड) भाजीपाल्याची लागवड
इ) फळझाडांची सुधारित लागवड
ई) फुलझाडांची लागवड
उ) कलमा करपाच्यो पध्दती

## ३. पशुविज्ञान

अ) डुक्करां पोसपाचे तंत्रज्ञान
ब) दुग्धव्यवसाय
क) सायलेज करपाच्यो पध्दती
ड) करडापासुन पुष्टीक खावड करपाच्यो पध्दती
इ) कुकडां पोसप
ई) सोबेची नुस्ती पोसपाचे तंत्र
ड) सोशे पोसपाचे तंत्र

## ४. पिकसंरंक्षण विभाग

अ) भाताचे पिकसंरंक्षण
ब) बागायती पिकांच्या रोग किडींचे व्यवस्थापन
क) भीकणाच्या रोग किडींचे व्यवस्थापन
ड) काजुच्या रोग-किडींचे व्यवस्थापन
इ) म्होवाचे मुस पोसपाचे तंत्रज्ञान
ई) अळम्याचे बी तयार करपाचे तंत्रज्ञान

## ५. गृहशास्त्र विभाग

अ) अन्न टिकोवपाचे तंत्रज्ञन
ब) गृहणीचे उत्पन्न वाडोवपाचे उद्योग
क) कमी खर्चाचे पुष्टीक पदार्थ
ड) अळम्याचे पदार्थ
इ) ल्हान भुरग्याची कुयदाद

## ६. कृषि विस्तार विभाग

अ) नेतृत्व विकास
ब) पंचायत राज पध्दत

कृषि विज्ञान केन्द्राच्या चडशा प्रशिक्षण कार्यक्रमाचो कालावधी १-३ दिसांचो आसता. हे कार्यक्रम केन्द्राचेर आयोजीत करपांत येतात तशेच गांवागावानी वचुन प्रशिक्षण कार्यक्रम घेवपात येतात. कृषि विज्ञान केन्द्राचेर दिवपात येता त्या प्रशिक्षणाचे वैशिष्ट म्हणजे हांगा प्रत्यक्ष कृती करुन प्रशिक्षण दिवपात येता, तशेच प्रशिक्षणार्थी प्रत्यक्ष कृती करून प्रशिक्षण घेतात. हांगा प्रात्याक्षिकावरवी प्रशिक्षण दिवपात येता.

प्रशिक्षण दिले म्हन्टकच केन्द्राचे काम सोपले अशे ना. घेतील्या प्रशिक्षणाचो तांका किदे फायदो जाता, जाव तांका मुखार किते अडचणी येतात, हाचो पाठ पुरावो करपात येता, आणि गरजेप्रमाण तांका सल्लो दिवपात येता.

१९८५ सालापासून कृषि विज्ञान केन्द्रान वेगवेगळ्या विभागान आयोजीत केले तें प्रशिक्षण कार्यक्रम अशे आसात.

| क्र. | विभाग | प्रशिक्षण कार्यक्रम | प्रशिक्षणार्थी |
|---|---|---|---|
| १. | शेती | २९२ | ४३१३ |
| २. | बागायती | २९७ | ५१९४ |
| ३. | पशुविज्ञान | १२५ | १५८१ |
| ४. | पिक संरक्षण | ५२ | ६१५ |
| ५. | गृहविज्ञान | २३६ | ३८५७ |
| ६. | शेती विस्तार | ११ | १०७ |
| | एकुण | १०१३ | १५७४७ |

कृषि विज्ञान केन्द्राचे दुसरे महत्त्वाचे काम म्हणजे शेतकऱ्याच्या शेताचेर प्रयोग करप, तशेच प्रात्याक्षिका घेवप. या प्रात्यक्षिकावरवी काय तंत्रज्ञान शेतकऱ्यामेरेन पावयला ते अशे

१. बासुमती भात लागवड, २. भिकणाच्यो सुधारित जाती, ३. काजुचे फागुर कलम, ४. अळमी लागवड, ५. माडामधी मसाल्याची पिकां घेवप, ६. पसरबाग, ७. भाजीपाल्याच्यो सुधारित जाती, ८. कणगांच्या पालींचे व्यवस्थापन, ९. माडावयल्या सोणया भुगुल्याचे व्यवस्थापन, १०. सोशे पोसप, ११. डुक्कर पोसप, १२. घरच्या आवारान कोंबड्यो पोसप, १४. कमी खर्चानं पुष्टीक पदार्थ, १५. अन्न टिकोवपाच्यो पध्दती.

जेंका कृषि विज्ञान केन्द्राच्या कार्यक्रमांत भाग घेवपाचो आसा ताणी आपले नांव, पत्तो तशेच प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे नांव बरोवन या पत्याचेर धाडचे.

**प्रशिक्षण आयोजक, कृषि विज्ञान केन्द्र**
एला, ओल्ड-गोवा - ४०३ ४०२.

उजवाडावपी :- **डॉ. डी. जी. धंदर**, *संचालक*
भारतीय शेती संशोधन परिषद
संशोधन संकुल, ओल्ड गोवा, ४०३ ४०२.

बरोवपी :- **श्री. विश्राम गांवकर**
प्रशिक्षण आयोजक, कृषि विज्ञान केंद्र

संपादक :- **डॉ. पी. जी. अडसुळे**
प्रधान शास्त्रज्ञ (बागायत)